**शिक्षक आनी शिक्षणिक संस्थांनी उदार आनी निसुवार्थ भावनेन विद्यादान करपाची गरज**

**- मुख्यमंत्री**

ता. 13 जानेवारी 2020

शिक्षक आनी शिक्षणिक संस्थांनी शिक्षणाकडेन एक धंदो म्हुण पळयनासतना सगळे बाबतीत सुसंस्कृत समाज निर्माण करपा खातीर उदार आनी निसुवार्थ भावनेन विद्यादानाचे कार्य करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल साखळे रवींद्र भवनात कारापूरच्या डॉ. केशव बळीराम हेडगेवार विद्यामंदीराच्या वर्सुकीं संमेलनाचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना सांगले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणले, शिक्षणदान हे उदार आनी निसुवार्थ सेवा आसून शिक्षकांनी शिक्षणाच्या मळार घडपी नवीन बदलांची जाणीव दवरून विद्यार्थ्यांक दर्जेदार शिक्षण दिवपाची आनी तांका स्पर्धात्मक परिक्षांखातीर तयार करपाची गरज आसा. साखळी आनी सरभोवतणच्या वाठारांतल्या भुरग्यांक दर्जेदार शिक्षण दिवपा खातीर हेडगेवार विद्या प्रतिश्ठान संस्थेन सुरू केल्ल्या प्रयत्नांची मुख्यमंत्र्यान तोखणाय केली.

डॉ. के. ब. हेडगेवार शिक्षण प्रसारक मंडळाचे सचिव श्री. सुभाष देसाय हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

डॉ. के. ब. हेडगेवार शिक्षण प्रसारक मंडळाच्या कार्यकारी समितीचे अध्यक्ष श्री. कृष्णराज सुकेरकर, सचिव श्री. सुभाष देसाय, हेडगेवार विद्यामंदीराचे मुख्याद्यापक श्री. सदानंद मिशाळ, अध्यक्ष श्री. उल्हास केरकर, वेवस्थापक सदानंद डिचोलकर, पालक-शिक्षक संघाचे अध्यक्ष श्री. उदयसिंह राणे आनी खजिनदार श्री. आशिष ठाकुर देसाय व्यासपिठाचेर हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं "अजेय भारत" महानाट्याच्यो लेखिका श्रीमती निलांगी शिंदे आनी दिग्दर्शक श्री. शिवनाथ नाईक हांचो सत्कार केलो.

डॉ. केशव बळीराम हेडगेवार विद्यामंदीराच्या विद्यार्थ्यांनी भारतीय स्वातंत्र्याचे दर्शन घडोवपी "अजेय भारत" महानाट्य ह्या वेळार सादर केले.

सुरवातीक श्री. सदानंद मिशाळ हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री. आशिष ठाकूर देसाय हांणी मानेस्तांची वळख करून दिली. श्रीमती अनुषा शेणॉय हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी श्री. उदयसिंह राणे हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/37